Panaji Regional
22nd January 2025 7.25am

Rashmi – 130

विकसित भरत रोजगार  आनी उपजिविका हमी अभियान येवजण विकसित भारत २०४७ करतनाच विकसित आनी स्वंयपुर्ण गोंय २०३७ करपाक व्हड महत्वाची थारतली अशे मत ग्रामीण उदरगत खात्याचे सचिव अर्जन मोहन हांणी व्यक्त केला. मनरेगा येवजणेत कांय  बदल आनी सुटसुटीतपणा तशेच तंत्रिक आदार घेवन ही येवजण आता १२५ दिसाची रोजगाराची हमी, तंत्रगिन्यानाच्या मजतीन कामाचें मुल्याकंन आनी मोनिटरींग,तशेंच गरजवंताक  उपजिविका आनी अर्थिक रित्या सक्षम करपाक मोलादिक थारतली अशे तांणी म्हणला. उदकाची सुरक्षितताय ताची साठवणुक,तशेंच  वेगवेगळ्यो भौशिक  मुळाव्या पांवडयावेली बांधकामा, वातवरणात जावपी बदलाच्या फांटभुयेर  वेगेवगळे उपक्रम राबवक, तशेच  पिकावळ आनी उत्पादनाक मार्केट मेळोवन दिवपाच्य हेतान  ही येवजण खरी दुवा थारतली असो विस्वास तांणी व्यक्त केला. गोंय पत्र सूचना कार्यालयावतीन काल  विकसित भारत  रोजगार हमी आनी आजिवन मिशन येवजणेची म्हायती दिवपाखातीर दिसांळी तशेच प्रसार माध्यमाखातीर खासा  वार्तालाप कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार अर्जुन मोहन उक्तावण सुवाळ्या उपरांत उलयताले.

Ganesh – 105

100 एमएलडी उदकाचो नवो प्रकल्प सुरू जाले उपरांत  एप्रील मेरेन उदकाचो उणाव पयस जातलो, अशी म्हायती पिवपाच्या उदका  खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची भेट घेतल्या उपरांत तांणी ही म्हायती दिली. चडान चड लोकांक 24 वरां पिवपाचे उदक मेळचे, म्हूण आमचे यत्न सुरूच आसा. मात पायपा आनी हेर मुळाव्यो सुविदा पोरण्यो जाल्या. एप्रील मेरेन आनीक 100 एमएलडी उदकाचो प्रकल्प तयार जातलो. हाचे उपरांत काय प्रमाणात उदकाचो उणाव पयस जातलो, अशेंय तांणी सांगलें. सध्या आमका जे उदक मेळटा त्या सगळ्या उदकाची पुरवण जाता. मात उदकाचो दाब वाडयल्यार पायपलायन फुटटा आनी उदक फुकट वता. हाका लागून उदकाचो उणाव जाता, अशें तांणी सांगलें.

Nabin – 80

भाजपाचे नवे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हे 30 आनी 31 जानेवारी अशें दोन दीस गोंयांत आसतलें. फुडारी, पदाधिकारी हांका मार्गदर्शन करपा सयत ते संघटणात्मक कार्याचो नियाळ घेतलें. भाजप प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांणी ही म्हायती दिली.

नितीन नबीन हांचे नामांकन भरपा सयत तांकां परबीं भेटोवपा खातीर मुखेलमंत्री  डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत राज्यांतले मंत्री, पदाधिकारी दिल्लीत गेल्ले. ताबो घेतले उपरांत नितीन नवीन हांणी बुधवारा दिल्लींत सगल्या प्रदेश अध्यक्षांची बसका घेतली. हे बसकेक प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हाजीर आशिल्ले.

DIP – 150

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी ऑनलायन आरटीआय वेबसायट पोर्टल चलना आनी खात्याक हे विशीं जाणीव ना म्हणपाची कांय खबरांपत्रांनी उजवाडाक आयिल्ली बातमी चुकीची आसा, असो खुलासो खात्यावतीन केला.

खात्यान आपल्या खुलाशात म्हणला, (rtionline.goa.gov.in) हो ऑनलायन आरटीआय पोर्टल बरे तरेन चालू आसा. हो पोर्टल एनआयसी न तयार केला आनी ते देखरेख करतात. आरटीआय अर्ज आनी अपील करपाक तशेंच फी फारीक करपाक सोंपेपण जावचे म्हूण सरकारान ऑनलायन आरटीआय वेबसायट सुरू केल्ली. म्हायती हक्क कायद्यात पारदर्शकता आनी तत्परता हाडपाक ऑनलायन आरटीआय पोर्टलाची मजत जाल्या. ते खातीर कांय खबरांपत्रांनी उजवाडाक आयिल्ली बातमी चुकीची आनी दिशाभूल करपी आसा. ऑनलायन आरटीआय अर्ज दाखल करपाक कसलीय समस्या येता आसत जाल्यार मजती खातीर खात्याकडेन संपर्क करचो, अशें खुलाशात म्हणला.

Republic day – 65

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी 2026 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनयतले. राज्य पांवड्यावयलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो सकाळी 8.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर जातलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

सुवाळ्याच्या थळार राज्यपालांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी येवकार दितले.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३०.३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **१९.2** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले

Cricket – 40

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं नागपूरांत जाल्ल्या पांच मॅचींच्या माळेंतल्या पयल्या टी-20 मॅचींत भारतान न्यूझीलंडाक 48 धांवड्यांनी हारयलो.